1 लोकसभेन वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 संमत केले .

2 राज्यसभेन इमिग्रेशन अँड फॉरेनर्स बिल, २०२५ मान्य केलें.

3 राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू ह्या म्हयन्याच्या 7 तारखे सावन पोर्तुगाल आनी स्लोव्हाकियाच्या चार दिसांच्या भोंवडेर आसतली.

4 सव्या बिम्स्टेक शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन थायलंडाचे दोन दिसांच्या भेटी खातीर भायर सरले.

5 भारत-जपान दर्या वेव्हाराचो सातवो संवाद जपानांतल्या टोकियो शारांत जालो.

वक्फ 300

लोकसभेन वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 संमत केले .288 वांगड्यांनी विधेयकाच्या वटेन आनी 232 वांगड्यांनी विधेयकाच्या विरोधांत मतदान केलें. तशेंच मुसलमान वक्फ कायदो, 1923 रद्द करपी मुस्लिम वक्फ (रद्द करप) विधेयक, 2024 हांकां सभाघरान मान्यताय दिली.हाचे आदीं संयुक्त संसदीय समितीन सादर केल्ल्या अहवाला प्रमाण लोकसभेन वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 विशीं चर्चा केल्ली. केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजून काल दनपारां लोकसभेंत हें विधेयक मांडलें. विधेयक मांडटना मंत्र्यान सांगलें, ह्या विधेयकाचो मुसलमानांच्या धर्मीक प्रथे कडेन कांयच संबंद ना आनी तातूंत फकत वक्फ मंडळांच्या मालमत्तेचोच संबंद आसा. वक्फ मंडळांक समावेशक आनी धर्मनिरपेक्ष करपाची सरकाराची इत्सा आसा अशें तांणी सांगलें. हो कायदो मशिदींच्या वेवस्थापनाक न्हय अशेंय तांणी सांगलें. मंत्र्यांनी या कायद्याक एक संभाव्य विधान म्हणले आनी कोणाचीय मालमत्ता जप्त करपाचो हेतू ना अशें सांगले. विरोधकांनी ह्या विधेयकाचेर लोकांक चुकीची वाट दाखयल्या असो आरोप तांणी केला. कायद्याचो मसुदो तयार करतना संयुक्त संसदीय समिती तशेंच सरकारान भागधारकां कडेन व्हड प्रमाणांत सल्लामसलत केल्ल्याचेंय तांणी सांगलें.

चर्चा सुरू करतना कॉँग्रेसीच्या गौरव गोगोय हांणी सरकारान ह्या विधेयकाचेर लोकांक चुकीची वाट दाखयल्या असो आरोप केलो. हें विधेयक संविधाना आड आसा अशें तांणी सांगलें. ह्या विधेयकांतल्यान सरकार संविधान दुबळें करपाक, अल्पसंख्यांकांची बदनामी करपाक आनी भारतीय समाजांत फूट घालपाक सोदता असो आरोप तांणी केला.

चलनवाड, बेकारी, नोटाबंदी आनी हेर प्रस्नां कडेन संबंदीत आशिल्लीं अपेसां लिपोवपा खातीर सरकारान हें विधेयक हाडलां, या कायद्याक लागून देशाच्या धर्मनिरपेक्ष प्रतिमेक धक्को बसतलो असो आरोप समाजवादी पक्षाचे अखिलेश यादव हांणी केला. तृणमूल कॉँग्रेसीचे खासदार कल्याण बॅनर्जी हांणी प्रस्तावीत कायदो चुकीचो, तर्कहीन आनी मनमानी अशें म्हणलें. डीएमकेच्या एका राजा हाणी कायद्याक असंविधानीक आनी अल्पसंख्यांक विरोधी अशें म्हणलें. हे चर्चेक जाप दितना केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलें,की खंयचोच बिगर मुसलमान वक्फांत येवचो ना. धर्मीक संस्थांच्या वेवस्थापनांत खंयच्याच गैर मुसलमानांक आस्पाव करपाची तरतूद ना अशें तांणी सांगलें. ह्या विधेयकाक लागून मुसलमानांच्या धर्मीक आचरणांत आडमेळीं येतली आनी तांणी दान केल्ल्या मालमत्तेंत आडमेळीं येतली हो व्हडलो गैरसमज आसा अशें शाहा हाणी सांगलें. तांच्या मतदारांक भंय निर्माण करपा खातीर आनी कांय मतदारांक खोशी करपा खातीर अल्पसंख्यांक लोकां मदीं ही गैरसमज पातळायतात अशें तांणी सांगलें. तेन्नाच्या कॉँग्रेस सरकारान 2013 वर्सा ह्या विधेयकांत दुरुस्ती करूंक नाशिल्ली जाल्यार हें विधेयक गरजेचें नासलें अशें शाहा हाणी सांगलें.

इमिग्रेशन 170

राज्यसभेन इमिग्रेशन अँड फॉरेनर्स बिल, २०२५ मान्य केलें.लोकसभेन हें विधेयक पयलींच संमत केलां. ह्या कायद्यान भारतांत परदेशी लोकांच्या स्थलांतर, प्रवेश आनी राबितो हांचेर नियंत्रण दवरपाचो यत्न केला. ह्या कायद्यान पासपोर्ट (भारतांत प्रवेश) कायदो, १९२०, परदेशी लोकांची नोंदणी कायदो, १९३९, परदेशी लोक कायदो, १९४६ आनी इमिग्रेशन (वाहक दायित्व) कायदो, २००० रद्द केला.ह्या विधेयकांत इमिग्रेशन कायद्यांचें आधुनिकीकरण करपाचो हेतू आसा आनी पासपोर्ट, प्रवास दस्तावेज, व्हिसा आनी नोंदणी हांचे संबंदी केंद्र सरकाराक कांय अधिकार दिवपाच्यो तरतुदी आसात. विधानसभेंत ह्या विधेयकाचेर जाल्ले चर्चेक जाप दितना गृह राज्यमंत्री नित्यानंद राय हांणी सांगलें, हो कायदो भारतांत येवपी परदेशी लोकांचे सगले अद्ययावत नोंदी राखपाक आनी वेवस्थापन करपाक मदत करतलो. शिक्षण, संशोधन आनी विकास कार्या खातीर हांगा येवपी सगल्या लोकांक देशांत येवकार आसा अशें ताणी सांगलें. अस्तंत बंगालांतल्या तृणमूल सरकारान आंतरराश्ट्रीय शिमेचेर फेन्सिंग करपा खातीर केंद्राक जमीन दिवंक नाशिल्ल्याचोय आरोप तांणी केला. भाजपा सत्तेर नाशिल्ल्या शिमेवयल्या राज्यांनीच घुसखोरी घडटा अशें तांणी सांगलें. ही जाप दितासताना काँग्रेस, तृणमूल काँग्रेसी सयत विरोधी वांगडयाआनी सभात्याग केलो. कामकाज पुराय जाले उपरांत आज सकाळीं 11 वरांचेर परतून बसका घेवपा खातीर सभाघर स्थगीत केलें.

मुर्मू 190

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू ह्या म्हयन्याच्या 7 तारखे सावन पोर्तुगाल आनी स्लोव्हाकियाच्या चार दिसांच्या भोंवडेर आसतली. पुर्तुगालाक भेट दितना राष्ट्रपती आपले समपदस्त मार्सेलो रेबेलो द सौसा हांची भेट घेतली.आनी शिष्टमंडळ पातळेचेर उलोवणी करतली . तशेंच पोर्तुगेजाचे प्रधानमंत्री लुईस मॉन्टेनेग्रो आनी राष्ट्रीय सभेचे अध्यक्ष जुजे पेड्रो आगियार ब्रानको हांचीय भेट घेतली. ही बसका 27 वर्सां उपरांत जाता. भारत आनी पोर्तुगाल हांचे राजनैतिक संबंधांच्या पुनर्स्थापनेची ५० वर्सां मनयतासताना ही भेट जाता. भारत आनी पोर्तुगाल हांचे इतिहासीक आनी इश्टागतीचे द्विपक्षीय संबंद आसात, जे हलीच्या वरसानी आधुनीक, बहुआयामी आनी गतिशील भागीदारींत विकसीत जाल्यात, सहकार्याच्या जायत्या वाठारांनी घट वाड आनी विस्तार दिसून आयला. ही भेट पुर्तुगाला कडेन भारताच्या वाडट्या संबंदांक आनीक चालना दितली आनी नवी गती दितली. हे भेटी उपरांत राष्ट्रपती मुर्मू राष्ट्राध्यक्ष पीटर पेलेग्रीनीच्या आमंत्रणा प्रमाण 9 एप्रील ते 10 एप्रील मेरेन स्लोव्हाकियाक वतली . हे भेटी वेळार राष्ट्राध्यक्ष पीटर पेलेग्रीनी आनी प्रधानमंत्री रॉबर्ट फिको हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतली. तशेंच स्लोव्हाक प्रजासत्ताकाच्या नॅशनल काउन्सिलाचे अध्यक्ष रिचर्ड रासी हांकाय मेलटली. 29 वर्सां उपरांत भारतीय राष्ट्रपतीची स्लोव्हाकियाची ही पयली भेट. राष्ट्रपतीची ही राजकी भेट भारत स्लोव्हाकिया कडेन आशिल्ल्या द्विपक्षीय संबंदाक कितलें म्हत्व दिता तें दाखयता. हाका लागून आमचे द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाची आनी वाडोवपाची संद मेळटली.

मोदी 180

सव्या बिम्स्टेक शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन थायलंडाचे दोन दिसांच्या भेटी खातीर भायर सरले. 2016 आनी 2019 उपरांत प्रधानमंत्र्यांची ही तिसरी थायलंड भेट.ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री फाल्यां बँकॉकांत आपले थायलंडाचे समपदस्त पैटोंगटार्न शिनावात्रा कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले. द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय प्रगतीचो नियाळ घेतले आनी भारत-थायलंड द्विपक्षीय भागीदारी आनीक गती दिवपाचे मार्गांचेर चर्चा करतले, आनी प्रादेशिक आनी बहुपक्षीय मुद्द्यांचेर विचारांची आदान-प्रदान करतले. तशेंच जायत्या द्विपक्षीय कागदपत्रांचेर सय करतले.

ह्या शुक्रारा जावपी सव्या बिमस्टेक शिखर सभेचो विशय "बिमस्टेक - समृध्द, लवचीक आनी उक्तो" असो आसा. ह्या शिखर सभेंत बँकॉक व्हिजन 2030 स्वीकारतले आनी बिमस्टेकाची फुडाराची दिका थारावपा खातीर बिमस्टेक नामनेच्या व्यक्ती गटाच्या अहवालाकय मान्यताय दितले. तशेंच प्रधानमंत्री मोदी धावे राजा रामा आनी थायलंडाची राणी हांचीय भेट घेतले.

ह्या शिखर सभेंत जायत्यो कबलाती आनी घोशणा जावपाची शक्यताय आसा. प्रधानमंत्रयाचे हे भेटीक लागून 2019 वर्साचे भेटी उपरांत द्विपक्षीय संबंदांत सकारात्मक गती निर्माण करपाची संद मेळटली.बिमस्टेक शिखर सभे उपरांत

श्रीलंकेचे अध्यक्ष अनुरा कुमार दिसनायकेच्या आमंत्रणा प्रमाण प्रधानमंत्री मोदी 4 ते 6 एप्रील मेरेन श्रीलंकेक भेट दितले. हाचे आदीं दिसनायके हाणी पदभार स्वीकारले उपरांत पयली विदेशी भोंवडी म्हूण भारताक भेट दिली.

SPORTS 50

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत बेंगळुरूच्या एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमर जालया खेळात गुजरात टायटन्सान 17.5 ओव्हरींनी 170 धांवड्यांचें ध्येय गाठून रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूचो ८ विकेट्सन पराभव केलो.

ब्राझील 2025 संवसारीक मुष्टियुध्दांत ग्रेट ब्रिटनाच्या आलिस ट्रॉब्रिज हाका 3-2 अशी मात करून भारतीय मुष्टियुध्द खेळगडो जदुमणि सिंग मंडेंगबम हाणें 50 किलो वजनाच्या विभागांत उपांत्य फेरयेंत प्रवेश केलो.

मंडविय 125

लोकशाय वादविवादान न्हय तर रचनात्मक संवादांतल्यान नागरिकांचें काळीज जिखपाचेर केंद्रीत आसा अशें केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ मनसुख मांडविया हाणी सांगले आनी भारताच्या विविधतेचे कौतुक केले. नवी दिल्लींत दोन दिसांच्या विकसीत भारत युवा संसद महोत्सव २०२५ च्या राष्ट्रीय फेरयेचें उक्तावण करतना ते उलयताले . युवा भाग घेवप्यांक आपलो वेवसाय कसलोय आसू पुण राष्ट्र पयली मानसिकताय आपणावपाक ताणी प्रोत्साहित केले . विकसीत भारत युवा संसद ही एक माची आसा जी भविष्यातल्या फुडाऱ्यांक आकार दिता, तरणाट्यांक अर्थपूर्ण चर्चा करपाक सक्षम करता अशें तांणी सांगलें. 75 हजारां वयर तरणाट्यांनी ह्या उपक्रमांत वांटो घेवपा खातीर एक मिनटाचे व्हिडियो सादर केल्यात अशें सांगले . जिल्लो आनी राज्य पांवड्यार खरपणान वेचून काडले उपरांत निमाणे प्रतिश्ठीत संसदेंत भाग घेवपाक सहभागीक एकठांय हाडटात, जंय फुडारी आनी धोरण निर्माते भारताचे वर्तमान घडयतात ताणी म्हळे.

भारत-जपान 50

भारत-जपान दर्या वेव्हाराचो सातवो संवाद जपानांतल्या टोकियो शारांत जालो. ह्या संवादांत दोनूय वटांनी समावेशक वाड आनी जागतीक बरेपणा खातीर फावो अशें सुरक्षीत दर्या वातावरण सांबाळपाचे मार्गांचेर भासाभास केली. तशेंच दर्या क्षेत्र जागृताय, बेकायदेशीर दर्या क्रियाकलापांक आळाबंद हाडप, क्षमता उदरगत आनी क्षमता निर्माण उपक्रम अशा मळार आपले समयीक यत्न घटमूट करपाक दोनूय वटांनी मान्यताय दिल्या.